राष्ट्रीय खबरो

05.06.2025 @ 8.40 am

1 नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत 2025 वर्साच्या संरक्षण सेवा सुवाळ्या वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ब्यांनव विशिष्ठ सेवा सम्मान भेटयले.

2 संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भगवान महावीर वनस्थळी पार्कांत झाडां रोवपाच्या खाशेल्या मोहिमेचे फुडारपण करतले

3 संसदेचें पावसाळी अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याच्या 21 तारखे सावन सुरू जातलें.

4 गोंया सारख्याा पर्यटन राज्यात app based taxi चालीक लावप ही काळाची गरज अशे गोय सरकाराचे म्हणणे आसा

5 फ्रेंच ओपन टेनिस सर्तीत दादल्यांच्या एकोडी उपांत्य फेरयेत नोवाक जोकोविचान जर्मनीच्या अलेक्झांडर झ्वेरेवाक हारयलो.

मूरम् 110

नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत 2025 वर्साच्या संरक्षण सेवा सुवाळ्या वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ब्यांनव विशिष्ठ सेवा सम्मान भेटयले.सशस्त्र दळ, भारतीय तटरक्षक दल आनी बॉर्डर रोड organisationआच्या जवानाचो ताणी भोवमान केलो. विशिश्ट सेवे खातीर कर्मचाऱ्यांक 30 परम विशिष्ठ सेवा पदकां, पांच उत्तम युद्ध सेवा पदकां आनी सत्तावन अति विशिष्ठ सेवा पदकां भेटयली. लेफ्टनंट जनरल मनोज कुमार कटियार, vice एडमिरल संजय जस/जीत सिंग, एअर मार्शल नागेश कपूर हांकां परम विशिष्ठ सेवा पदकां फावो जाल्यात. लेफ्टनंट जनरल राजीव घई, एअर मार्शल पंकज मोहन-सिन्हा आनी हेरांक उत्तम युद्ध सेवा पदक फावो जाले.लेफ्टनंट जनरल भवनीश कुमार, महासंचालक

परमेश शिवामणी, रियर एडमिरल संदीप मेहता, एअर vice  मार्शल अजय कुमार पान, बॉर्डर रोड ऑर्गनायझेशनचे जॉर्ज पी चेरियन हांकां अति विशिष्ठ सेवा पदकां फावो जाले.

पीएम 100

संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 10:15 वरांचेर नवी दिल्लींतल्या भगवान महावीर वनस्थळी पार्कांत झाडां रोवपाच्या खाशेल्या मोहिमेचे फुडारपण करतले. आनी पर्यावरण संवर्धन आनी हरित गतिशीलते खातीर भारताची वचनबद्धताय उक्तायतले. एक पेड माँ के नाम उपक्रमा खाला प्रधानमंत्री वडाचे रोप लायतले. 'अरावल्ली ग्रीन वॉल प्रकल्पाचो' हो एक भाग आसतलो. तशेच  शारी गति/शीलतेक चालना दिवपा खातीर प्रधानमंत्री दिल्ली सरकाराच्या स्वच्छ येरादारी उपक्रमांतर्गत 200 इलेक्ट्रीक बशींक पांचवो बावटो दाखयतले. भारतांतल्या आनीक दोन पाणथळ वाठारांचो आस्पाव रामसर स्थळांच्या वळेरेंत जाला आनी देशांतल्या अशा सुवातींचो आंकडो एकयांणव जाला.भारतांतल्या रामसर स्थळांच्या वळेरेंत ताजी जोडिली थळां म्हळ्यार राजस्थानांतल्या फलो/दीतले खिचन आनी उदयपूरांतले मेनार.

मोदी 45

केंद्रीय मंत्रीमंडळाची काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला बसका जाली. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत आनी ऑपरेशन सिंदूर खाला पाकिस्ताना आड देशान केल्ल्या प्रत्युत्तर कारवाये  उपरांत ही पयली बसका आशिल्ली. हे बसके वेळार अमित शाह, राजनाथ सिंग, नितीन गडकरी, जे.पी.नड्डा, चिराग पासवान, सी.आर. पाटील हांच्यासयत  केंद्रीय मंत्री उपस्थित आशीलले.

अधिवेशन 60

संसदेचें पावसाळी अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याच्या 21 तारखे सावन सुरू जातलें. ऑपरेशन सिंदूराचेर चर्चा करपा खातीर संसदेचें खाशेलें अधिवेशन आपोवपाची विरोधी पक्षांनी केल्ली मागणीचेर हें अधिवेशन आपयला. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, की हें अधिवेशन 12 ऑगस्टाक सोंपतले .पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत भारतान सुरू केल्ल्या ऑपरेशन सिंदूरा उपरांत हें पयलें संसद अधिवेशन आसतलें.

स्टेडियम 65

रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूच्या पयल्या आयपीएल जैताच्या निमतान कर्नाटकांत काल बेंगळुरूच्या चिन्नास्वामी स्टेडियम लागसार जाल्या चिडडाचिडडीत उणेच 11 जाणांक मरण आयलें आनी 33 जखमी जाले. हजारांनी चाहत्यांनी वेगवेगळ्या गेटींतल्यान स्टेडियमांत घाईघाईन प्रवेश करपाचो यत्न केल्ल्यान ही चिडडाचिडडी जाली. जखमींक लागसारच्या हॉस्पिटलांत व्हेले. हे घडणुकेंत मरण आयिल्ल्या विशी  राष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री हांणी दुख्ख उक्तायलां. कर्नाटकाचे मुख्यमंत्री सिद्दारमैया हांणी मरण आयिलयांच्या कुटुंबियांक दरेकीं 10 लाख रुपयाची  लुकसाण भरपाय दिवपाची घोशणा केल्या.

रेल 35

तात्काळ तिकीट बुक करपा खातीर भारतीय रेल्वे बेगीनूच ई-आधार प्रमाणी/करणाचो वापर सुरू करतली अशें रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें. हाका लागून खऱ्या वापर/प्यांक गरजेच्या वेळार कन्फर्म तिकीट मेळपाक मजत जातली अशें वैष्णव हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणला.

जयशंकर 100

भारत आनी ऑस्ट्रेलिये मदी द्विपक्षीय सहकार्यांत व्हड प्रमाणांत वाड आनी विविधताय दिसून आयल्या अशें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणला. नवी दिल्लींत भारत-ऑस्ट्रेलिया व्यापक धोरणात्मक भागीदारीच्या पांच वर्सां

खातीर जाल्ल्या कार्यावळींत उलयतना ताणी म्हणले की ऑस्ट्रेलिया हो भारताचो सगळ्यात लागीचो राजकीय इष्टा पैकी आणि सगळ्यात मजबूत सुरक्षा भागीदारांपैकी एक  आसा आणि हे घट इश्टागतीचें कारण म्हणल्यार दोनूय देशांतलें घटमूट फुडारपण. हो संबंद चड उंचायेर व्हरपाची आनी महत्वपूर्ण खनिजां, सायबर तंत्रज्ञान, अंतरिक्ष आनी बंदरां सारकिल्या वाठारांक सहकार्याचे फुडले वाठार म्हणून पळोवपाची वचनबद्धताय मंत्र्यांनी परत उक्तायली . संरक्षण आनी उर्जा ह्या सारक्या मळार भारत आनी ऑस्ट्रेलियेन  खऱ्या अर्थान परिवर्तन पळयला अशें तांणी सांगलें.

वैष्णो 75

श्री माता वैष्णो देवी देवळाच्या बेस कॅम्प आशिल्ल्या पवित्र शार कटरा सावन काश्मीरा मेरेन बहुप्रतिक्षित रेल्वे सेवांचे फाल्यां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी उक्तावण करतले आनी उपरांत कटरा आनी बारामूल्ला  हांचे मदीं वंदे भारत रेल्वे सेवा सुरू जातली. उच्च तंत्रज्ञानाच्या वंदे भारत एक्सप्रेस रेल्वेक लागून पयलेच खेपे जम्मू ते श्रीनगर मेरेन थेट रेल्वे संपर्क सक्षम करटळो. प्रधानमंत्री चेनाब रेल्वे पुला सावन कटरा मेरेन रेल्वेंतल्यान वतले आनी प्रवासांत संवसारांतल्या सगळ्यांत उंचेल्या रेल्वे पुलाचें आणि अंजी खाड केबल-स्टेड ब्रिजचे  उक्तावण आनी निरीक्षण करतले

रश्मि 100

गोंया सारख्याा पर्यटन राज्यात app based taxi चालीक लावप ही काळाची गरज अशे सरकाराचे म्हणणे आसा,जाल्यार गोंयात taxi app सुरू जायत जाल्यार आमच्या वेवसायाचेर हावळ येतली अशे टॅक्सी वेवसायीकांचे म्हणणे.taxi aggrigator app च्या मसुद्याक गोंयच्या टॅक्सी वेवसायीकिनी विरोध केला. हो मसुदो सरकारान आमका विस्वासात घेनासतना केला अशे टॅक्सी वेवसाईक म्हणतात .हे वीशी 20 जुना उपरांत फुडे किते कारवाय करप ते वीशी थारयतले अशी म्हायती All goa pvt. taxi operators association चे अध्यक्ष चेतन कामत हांणी आकाशवाणी पणजी केद्रांच्या खबराकाराकडे उलयतना म्हणला. जाल्यार

सरकार टॅक्सी वेवसायीकांकडे उलोवन हो प्रस्न सुटावो करतले अशे सरकाराचे म्हणणे. इतलेमजगती गोंयात येवपी पर्यटकांनी गोया सारख्या पर्यटन राज्यात taxi app आसप गरजेचे अशी प्रतीक्रीया व्यक्त केल्या.byte

फ्रेंच 55

फ्रेंच ओपन टेनिस सर्तीत पॅरिसांत जाल्ल्या दादल्यांच्या एकोडी उपांत्य फेरयेत सव्या क्रमांकाच्या नोवाक जोकोविचान जर्मनीच्या तिसऱ्या क्रमांकाच्या अलेक्झांडर झ्वेरेवाक हारयलो.

आणि आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

1 नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत 2025 वर्साच्या संरक्षण सेवा सुवाळ्या वेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी ब्यांनव विशिष्ठ सेवा सम्मान भेटयले.
2 संवसारीक पर्यावरण दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भगवान महावीर वनस्थळी पार्कांत झाडां रोवपाच्या खाशेल्या मोहिमेचे फुडारपण करतले
3 संसदेचें पावसाळी अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याच्या 21 तारखे सावन सुरू जातलें.

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो राष्ट्रीय आयकात सांजेच्या 6.30 मिनिटांचेर नमस्कार